आकाशवाणी पणजी

Date : 23 /04/2025 6.30 PM

वाचपी :- सविता बर्वे

पहलगाम आतंकवादी हल्ल्याचेर सवसारभरतल्या देशानी दुख्ख परगटायला. भारताच्या एकचाराक तेंको उक्तावपा खातीर संवसारीक फुडाऱ्यांनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे कडेन संपर्क सादला. ऑस्ट्रेलियन प्रधानमंत्री अँथनी आल्बानीसान प्रधानमंत्री मोदी कडेन फोनाचेर उलयतना जम्मू-काश्मीरांतल्या आतंकवादी हल्ल्याचो खर निशेध केला.

मॉरिशसाचे प्रधानमंत्री डॉ नवीन रामगूलम हांणी प्रधानमंत्री हांकां फोन करून आतंकवादाच्या झुजांत दोनूय देश एकवटीत आसात अशें तांणी सांगलें

नेपाळाचे प्रधानमंत्री के.पी.शर्मा ओली हांणी ह्या आतंकवादी हल्ल्याचो खर निशेध केलो

155

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी काश्मीरांतल्या पहलगामांत जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्यांत मरण आयील्याक आरगा ओपल्यात . निरपराध लोकांक मारपी ह्या आतंकवाद्यांक माफ करचे नात अशें तांणी सांगलें. भारत आतंकवादा मुखार झुकचो ना अशें गृहमंत्र्यान सांगलें. जम्मू-काश्मीरांतल्या बैसरान रान वाठारांतल्या हल्ल्याच्या सुवातेर आयज गृहमंत्र्यान भेट दिली . तशेंच अनंतनागच्या सरकारी वैजकी म्हाविद्यालय हॉस्पिटलांत जखमींचे भलायके विशीं चवकशी केली. अधिकृत सुत्रांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण काल पहलगाम हल्ल्यांत थळाव्या दोन लोकां सयत 26 पर्यटकांक मरण आयलें. पुलिसांनी आनी गुप्तचर संस्थांनी ह्या तिगांय हल्लेखोरांचे रेखाचित्र जाहीर केल्यात. पहलगामांत जाल्या हल्या लागून काश्मीर देगणांत दीसभर पुराय बंद दवरला . चडशीं दुकानां, मुखेल बाजारपेठ, थळावे उद्देगीक आनी उत्पादन युनिट बंद आसात. जम्मू-काश्मीराचे मुख्यमंत्री उमर अब्दुल्ला हांणी केंद्रीय प्रदेशांतल्या सगल्या सरकारी कार्यालयांतल्या कर्मचाऱ्यांनी आदर आनी एकचाराचे निशाण म्हणून आयज दनपारां 3:30 वरांचेर दोन मिनटां मौन दवरपाचें आवाहन केली मजगती लश्कर-ए-तैबा हे आतंकवादी संघटनेकडेन संबंदीत आशिल्ल्या 'रेझिस्टन्स फ्रंट' पंगडान ह्या हल्ल्याची जापसालदारकी घेतल्या. मजगतीं, सुरक्षा दळान ह्या हल्ल्याच्या सूत्रधारांक धरपाखातीर सोद मोहीम खर केल्यात .

इतले मजगती गोंयचे मुखेलमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणी पहलगामांत जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्यांत मरण आयील्याक आरगा ओपल्यात. ह्या घडणूकेचो निषेध करताना मुखेलमंत्रयानी म्हळा
100

काल पहलगामांत जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्या उपरांत कैंद्रीय नागरी विमाननमंत्री के. राममोहन नायडू हाणी घरमंत्री अमित शहा हांचे वंगडा श्रीनगरसावन दिल्ली आणि मुंबईखातीर अधिक विमान उड्डाणं आयोजित करपावीशी चर्चा केली. सगल्या विमान कंपन्यांवंगडा बेगोबेग बसका घेतली. विमान कंपन्यांक नियमित भाडे पातळी दवरपाचे निर्देश दिल्यात तशेच हल्ल्यांत मरण आयिल्ल्या पर्यटकांचीं कुडीं आपल्या मूळ राज्यांत व्हरपाखातीर पुराय सहकार दिवपाचेय निर्देश दिल्यात. दिल्ली आणि मुंबईखातीर दरेकीं दोन विमानांची वेवस्था केल्या अशी म्हायती नागरी विमान मंत्रालयान दिल्या. एअर इंडिया आनी इंडिगो कंपनीन जम्मू-काश्मीरांत आडखून पडपी पर्यटकांखातीर विमानांची संख्या वाडयल्या अशें सोशल मिडियाचेर जाहीर केलां. तशेंच तिकीट रद्द केल्ल्या प्रवाशांक परतावो दिवपाची वेवस्था सुरू आसा

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंगान देशांच्या आतंकवादाआड शून्य सहिश्णुताय धोरण चेर भर दिलो . पहलगाम हल्ल्याच्या गुन्यांवकारांआड सरकार फावो कारवाय करतले अशें तांणी सांगलें. संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी आयज काश्मीर देगणांतल्या सध्याच्या सुरक्षा परिस्थितीचो तिनूय सेवांच्या वरिश्ठ अधिकाऱ्यां कडेन नियाळ घेतलो. संरक्षण सूत्रांनी सांगलें, लश्करी मुखेली जनरल उपेंद्र द्विवेदी, नौदल मुखेल एडमिरल दिनेश त्रिपाठी, वायुसेनेचो मुखेल हवाई मार्शल एपी सिंग आनी हेर वरिश्ठ अधिकाऱ्यांनी पहलगाम आतंकवादी हल्ल्या उपरांत सध्याचे सुरक्षा परिस्थिती विशीं राजनाथ सिंग हांका म्हायती दिली.

काँग्रेस अध्यक्ष मल्लिकार्जुन खर्गे आनी काँग्रेसीचो वडिल फुडारी राहुल गांधी हांणी पहलगाम आतंकवादी हल्ल्या विशीं कैंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा कडेन उलयतना आतंकवादाच्या आड झुजाक तेंको दिला सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री खरगे हांणी सांगलें, ह्या आतंकवादी हल्ल्याच्या गुन्यांवकारांक खर ख्यास्त जावची . राहुल गांधीन सांगलें,की बळी पडपी कुटुंबांक न्याय मेळपाक जाय. पहलगामांतल्या आतंकवादी हल्ल्या विशीं अद्ययावत म्हायती मेळोवपा खातीर श्री गांधीन जम्मू-काश्मीराचे मुख्यमंत्री उमर अब्दुल्ला हांचे कडेनय चर्चा केली.

45

भारतीय  हवामान खात्यान फुडल्या 4 दिसांत उदेंत मध्य प्रदेश, अस्तंत उत्तर प्रदेश,  बिहार, आनी ओडिशात उश्णतायेच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला. फुडल्या 7 दिसांत कर्नाटक, दर्यादेगेवेलो आंध्र प्रदेश, यानम, रायलसीमा, केरळ, माहे, तमिळनाडू पुडुचेरी आनी कराईकलात हलको ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय  imdन उक्तायला.

30

आयपीएल टी-20 क्रिकेट सरतित आयज आयज हैदराबादच्या राजीव गांधी आंतरराष्ट्रीय मैदानार सनरायझर्स हैदराबाद आनी मुंबय इंडियन्स  पंगडा मजगती खेल जातलो हो खेल सांजे  7:30 वरांचेर सुरू जातलो

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर  नमस्कार